Panaji National

11th November 2025 8.40am

काल सांजवेळा दिल्लीच्या लाल किल्ल्या लागसार एका मोटारींत जाल्ल्या शक्तिशाली स्फोटात आठ जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परिस्थितीचो नियाळ घेतलो.

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्यांखातीर आज मतदान जाता. सात राज्यांतल्या आठ विधानसभा जाग्यांच्या पोटवेंचणुके खातीरय आयज मतदान जाता.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन भूतानाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर वतात.

ढाकात चलतल्या आशियाई तिरंदाजी चैम्पियनशिपत भारतान दोन पदकां निश्चित केल्या.

Delhi – 100

काल सांजवेळा दिल्लीच्या लाल किल्ल्या लागसार एका मोटारींत जाल्ल्या शक्तिशाली स्फोटात आठ जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले. सांजवेळा सुमार 7 वरांक ट्रॅफिक सिग्नलचेर ह्युंडई i20 मोटारींत जाल्ल्या स्फोटाची चवकशी करतना तपासकर्ते सगले पर्याय उक्ते दवरतात अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलें. ताका लागून आनीक तीन ते चार मोटारींचे लुकसाण जालें आनी चलत वचपी आनी ऑटोरिक्शांतल्यान प्रवास करपी  लोक जखमी जाले. दिल्ली पुलीस, एनआयए, एनएसजी आनी फॉरेंसिक हांच्या पंगडांनी चवकशी सुरू केल्या आनी स्फोटाची अचूक तपशील बेगीनूच मेळटलो, अशे शाह हाणी   सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी गृहमंत्री अमित शाह कडेन उलयले. शाह हाणी स्फोट जाल्ल्या सुवातेक भेट दिली आनी लोकनायक जयप्रकाश हॉस्पिटलांत जखमींची भेट घेतली. गृहमंत्री आयज वरिश्ठ अधिकाऱ्यां बरोबर उंचेल्या पांवड्यावेल्या बसकेंत परिस्थितीचो नियाळ घेतले.

Bihar – 110

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्यांखातीर आज मतदान जाता. ह्या टप्प्यांत 20 जिल्ह्यांतल्या 122 मतदारसंघांनी मतदान जाता. मतदान सकाळीं 7 वरांचेर सुरू जाला आनी सांजवेळा 6 मेरेन चलतले. पूण सुरक्षा कारणांक लागून चैनपूर, गोविंदपूर, रजौली, जमुई, सिकंदर, चकाई, झाझा संयत सात विधानसभा मतदारसंघांनी सांजवेळा 5 वरांचेर मतदान सोंपतलें. तशेंच गया, औरंगाबाद, बांका, आनी रोहतास जिल्ह्यांतल्या कांय वाठारांनी आशिल्ल्या 1,202 मतदान केंद्रांनी सांजवेळा 5 वरांचेर मतदान सोंपतलें.

सुमार तीन कोटी सत्तर लाख पात्र मतदार 136 बायलां सयत एक हजार तीनशें दोन उमेदवारांचें फुडार थारायतले. चडशा मतदारसंघांनी एनडीए आनी महागठबंधन उमेदवार हांचे मदीं थेट लढत आसा.

वेंचणूक आयोगान मुक्त, निष्पक्ष आणि शांततायेन मतदान जावचें हे खातीर पुराय वेवस्था केल्या.

By-polls - 40

सात राज्यांतल्या आठ विधानसभा जाग्यां खातीर आज पोटवेंचणूक जाता. तातूंत जम्मू-काश्मीरांतलें बुडगाम आनी नगरोटा, राजस्थानांतलें अंता, झारखंडांतलें घाटशीला, तेलंगतलें जुबली हिल्स, पंजाबांतलें तरनतारन, मिझोरमांतलें दंपा, ओडिशांतलें नुआपाडा हांचो आस्पाव जाता. ह्या पोटवेंचणुके खातीर मतमेजणी 14 नोव्हेंबराक बिहार विधानसभा वेंचणुके बरोबर जातली.

PM Bhutan – 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन भूतानाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर वतात. हि भेट दोनूय राश्ट्रां मदीं उंचेल्या पांवड्यावेल्या आदान-प्रदानाची परंपरा अधोरेखित करता. भारत आनी भूतान हांचे मदली खाशेली इश्टागत आनी सहकार्य आनीक घटमूट करप हो ह्या भेटीचो उद्देश आसा.

हे भेटी वेळार,मोदी आणि भूतानचे राजे जिग्मे खेसर नामग्याल वांगचुक 1020 मेगावॅट क्षमतेच्या पुनात्सांगचु-II जलविद्युत प्रकल्पाचे उद्‌घाटन करतले. भारत आनी भूतान हाणी संयुक्तपणान हो प्रकल्प विकसित केला

Amit Shah – 140

महत्वाकांक्षी तरणाटे आनी समाजांतल्या वंचित वर्गांक सशक्त करपा खातीर शारी सहकारी बँकांनी मुखार येवंक जाय अशें गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. शाह हाणी काल नवी दिल्लींत शारी सहकारी पत क्षेत्रा विशींची आंतरराष्ट्रीय परिशद सहकारी कुंभ 2025 चें उक्तावण केले. त्या वेळार ते उलयताले.

पांच वर्सां भितर दोन लाखां परस चड लोकसंख्या आशिल्ल्या दरेका शारांत शारी सहकारी बँक स्थापन करपाचो लक्ष्य आसपाक जाय अशें शाह हाणी सांगलें.

ह्या वेळार, आंतरराष्ट्रीय सहकारी आघाडीच्या जागतिक क्रमवारीत पयल्यो दोन सुवातो मेळय्ल्या खातीर. शाह हाणी अमूल आणि इफ्कोचे अभिनंदन केले. देशभरांत तीन कोटी लिटर दूद एकठांय करून अमूल श्वेत क्रांती मुखार व्हरता अशें तांणी सांगलें. 93 लाख टन युरिया आनी डीएपी उत्पादन करून इफ्फको देशांतल्या पाचव्या क्रांतीचो एक स्तंभ जाला अशें केंद्रीय सहकार मंत्र्यांनी सांगलें. आयज इफ्फकोच्या नॅनो डीएपी आनी युरियाची निर्यात ब्राझील, अमेरिका, ओमान, जॉर्डन संयत 40 परस चड देशांनी जाता अशें तांणी सांगलें.

PM CM – 25

हरियाणाचे मुख्यमंत्री नायब सैनी हांणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेतली. झारखंडाचे राज्यपाल संतोष गंगवार हांणीय काल प्रधानमंत्री मोदी हांची भेट घेतली.

Birla – 85

1 डिसेंबर ते 19 डिसेंबर मेरेन चलपी संसदेचें शिंयाळ्या अधिवेशनांत विधायी कामकाज, सरकारी धोरणां, भौशीक प्रस्नांचेर अर्थपूर्ण आनी संरचीत चर्चा हांचेर भर दितले अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी सांगलां. काल कोहिमांत 22व्या राष्ट्रकुल संसदीय संघटना परिशदेच्या उक्तावण कार्यावळी उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना बिर्ला हाणी संसदेंत शिस्त आनी शिश्टाचार सांबाळपाचें महत्त्व अधोरेखित केले.

130व्या संविधान दुरुस्ती विधेयकाचो उल्लेख करतना बिर्ला हांणी संयुक्त संसदीय समिती घडयल्या आनी हे विशीं विचारविनिमय सुरू आसा अशी म्हायती दिली. समितीच्या चर्चांनी सगल्या राजकी पक्षांनी सक्रीयपणान वांटो घेवचो असो उलो तांणी मारला.

Unemployment – 70

देशांत बेरोजगारीचे प्रमाण ह्या वर्साच्या दुसऱ्या तिमाहींत देऊन 5.2 टक्के जाला, पयल्या तिमाहींत 5.4 टक्के आशिल्लें. सांख्यिकी आणि कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालयाच्या (MoSPI) मासिक कामगार शक्ती आणि बेरोजगारीच्या आकडेवारी प्रमाण अंदू जुलय-सप्टेंबर तिमाहीत गांवगिऱ्या वाठारांनी बेरोजगारीचे प्रमाण 4.4 टक्के आशिल्लें, जाल्यार शारांनी तें 6.9 टक्के आशिल्लें. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण ह्या वर्साच्या पयल्या तिमाहींत कामगार बळांत बायलांचो वांटो 33.4 टक्के आशिल्लो, जाल्यार दुसऱ्या तिमाहींत तो वाडून 33.7 टक्के जालो.

Javed Akhtar – 45

नामनेचो गीतकार आनी पद्मभूषण पुरस्कार फावो जाल्लो जावेद अख्तर हांणी कॉपीराइट कायद्याची कडक अंमलबजावणी केल्ल्या खातीर आनी संगीतकारांक फावो ती रॉयल्टी मेळोवन दिवपाक मजत केल्ल्या खातीर सरकाराचे उपकार मानल्यात. नवी दिल्लींत एका कार्यावळींत उलयतना तांणी सांगलें, फाटल्या वर्सा कलाकारांनि रॉयल्टीत सुमार 730 कोटी रुपया जोडले.

IMD – 35

भारतीय हवामान खात्यान आज केरळ आनी माहेत उटनगराचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान छत्तीसगड, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, मध्य प्रदेश, पंजाब आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात कुडकुडयाच्या शियाचो अदमास उक्तायला. तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात गडगड आनी जोगला मारपाची शक्यताय आसा.

SAI – 90

केंद्रीय खेळां मंत्री डॉ.मंसुख मांडाविया हांणी का भारतीय क्रीडा प्राधिकरण (SAI) सहाय्यक प्रशिक्षकांच्या पदा खातीर भरती मोहीम जाहीर केल्या. नवी दिल्लींत मिडिया कडेन संवाद सादतनां मंत्र्यांनी सांगलें, SAI भरती मोहिमेअंतर्गत 25 खेळां प्रकारांत तीनशें वीस वयर सहाय्यक प्रशिक्षक पदां भरतले.

Archery – 60

भारतीय दादल्यांच्या रिकर्व आनी बायलांच्या कंपाउंड तिरंदाजी पंगडांनी ढाकात चालू आशिल्ल्या आशियाई तिरंदाजी सर्तीच्या फायनलींत पात्रताय मेळयल्या आनी उण्यांत उणीं दोन पदकां निश्चित केल्यात. दादल्यांच्या रिकर्व पंगडान कझाकस्तानाचो 5-3 असो पराभव केलो. दादल्यांचो पंगड 14 नोव्हेंबराक दक्षिण कोरिया आड खेळतलो.भारतीय बायलांच्या तिरंदाजी पंगडान बांगलादेशाक हारोवन फायनलींत पावल घाले. निमाणी मॅच 13 नोव्हेंबराक सकाळीं 9:30 वरांचेर दक्षिण कोरिया आड जातली.